Panaji

Regional News

3 September 2026 7.20 PM

गोंय सरकारचे पुरातत्व खाते आनी  श्री सत्तकटेश्वर कोटी तीर्थ जिर्णोद्धार समिती हांच्या संयुक्त जोडपालवान श्री कोटी तीर्थ दिवाडी हांगसर फाल्या सकाळी १० वरांचेर उदक शांत आनी गंगापूजनाची कार्यावळ जातली. सुवाळ्याचे यजमान म्हुण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत तशेंच केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हाजीर आसतले. खास निमंत्रित म्हुण राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे आनी कुंभारजुवेचे आमदार राजेश फळदेसाय हाजीर आसतले. या सुवाळ्याक भाविकांनी वडा संकेन हाजीर रावचे अशे आवाहन जिर्णोद्धार समितीचे संयोजक डॉक्टर भूषण भावे तशेच पुरातत्व खात्याचे सचिव प्रसाद लोलयेकर हाणीं केला.

श्री सप्तकोटेश्वर देवळाच्या जीर्णोद्धाराच्या कामा वेळार १४व्या ते १६व्या शेंकड्यां संबंदीत पुरातत्वीय अवशेष मेळळयात. कोटी तीर्थ ते माधवाची तळी ह्या जुन्या वाटेर सापडिल्ल्या ह्या अवशेषांखातीर हांगा प्राचीन देवळाचे संकुल आनी पवित्र धार्मिक मार्ग आसपाचो पुरावो मेळटा.

ह्या शोधांत देवळाच्या दाराचेर पारंपरिकपणान कोरतात तो कीर्तिमुख अलंकार, देवळाच्या खांबाचो कोरिल्लो स्तंभशीर्ष, तशेंच मूर्ती स्थापणेखातीर वापरतात त्या देवखोस्तामाचे भाग हांचो समावेश आसा.

सापडिल्ल्या दगडांचे वेगवेगळे प्रकार तशेंच देवळांत वापरिल्ल्या कलात्मक आकृत्यांच्या अभ्यासांतल्यान, विजयनगर साम्राज्याच्या काळांत ह्या देवळाची पुनर्बांदणी जाल्ली आसपाची शक्यता दिसून येता. तेपयली कदंब काळांत आशिल्लें मूळ देवूळ नष्ट जाल्लें, अशें पुरातत्वीय पुराव्यांतल्यान सूचीत जाता.

ह्या वेगवेगळ्या काळांतले देवळाचे अवशेष श्री सप्तकोटेश्वर देवस्थानाचो ऐतिहासीक क्रम आनी गोयेंच्या प्राचीन धार्मिक वारशाक नवी उजळणी दितात. ह्या शोधाक गोव्याच्या सांस्कृतिक आनी नागरी वारशाच्या अभ्यासाच्या दृष्टीन महत्त्व आसा.

5 सप्टेंबर सावन फुकट LPG सिलिंडरांचे फॉर्म वाटप करपाक गोंयात सुरवात जातली. पात्र लाभार्थ्यांनी 5 ते 9 सप्टेंबर ह्या काळांत फॉर्म भरून सादर करचे अशी घोशणा मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज केल्या. हे अर्ज थळाव्या पंचायतीनी, नगरपालीकांनी तशेंच आमदाराच्या कार्यालयात उपलब्ध आसतले हें बद्दल उलयताना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें...(byte)

दोन दिसांच्या गोंय दौऱ्यार आशिल्ले मुखेल वेंचणुक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी बुधवारा ओल्ड गोयांतल्या ऐतिहासिक बोम जिझस बॅसिलिकेक भेट दिली. ह्या भेटी वेळार तांणी ह्या पवित्र स्थळाच्या आध्यात्मिक आनी ऐतिहासिक म्हत्वाची प्रसंशा केली.

मुख्य निवडणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी आपल्या घरकान्नीवांगडा ह्या युनेस्को जागतिक वारसा स्थळाक भेट दिली. भेटी उपरांत तांणी सांगलें की, ह्या पवित्र चर्चीक भेट दिवप तांकां आनी तांच्या घरकान्नीखातीर सन्मानाची बाब आसा. ह्या जागेचें आध्यात्मिक आनी ऐतिहासिक म्हत्व, तशेंच सगळ्या परिसराची शांतताय अणभवपासारखी आसा.

मुखेल वूंचणुक आयुक्तांचो गोय दौरो निवडणूक अधिकारी, तशेंच बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यांकडेन संवाद साधपाखातीर आनी मतदार साक्षरता तशेंच ECINET संबंदीत कार्यक्रमांत सहभागी जावपाखातीर आसा.

ओल्ड गोयांत आसपी बोम जिझस बॅसिलिका गोंयच्या ख्रिस्ती वारशातलें एक प्रमुख ऐतिहासिक स्थळ. ह्या बॅसिलिकेचें बांदकाम 1594 न सुरू जालें, आनी 1605 वर्सा हें काम पुराय जाल्लें. हांगा सोळाव्या शेंकड्यांतले जेसुइट धर्मप्रचारक संत फ्रान्सिस झेवियर हांचे अवशेष दवरले आसात. तांच्या अवशेषांक दर वर्सा जगभरांतल्यान भाविक भेट दितात. बोम जिझस बॅसिलिका; गोयांतलीं चर्चां आनी कॉन्व्हेंट्स हांचो समावेश 1986 वर्सा युनेस्कोच्या जागतिक वारसा स्थळांच्या यादींत जालो.

नुवें पंचायत सभाघरानं जाल्ल्या एका कारर्यावळीत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज बेताळभाटी, माजोर्डा, उतोर्ड्या भुयारी वीज केबलिंगाच्या कामांचो शुभारंभ केलो. हे शिवाय ह्या कार्यावळीवेळार  पात्र लाभार्थ्यांक 100 परस चड सनद प्रमाणपत्रां तशेंच 'म्हाजें घर' योजने खाला 20 कलमी कार्यक्रमाचीं कागदपत्रा दीली. घरांचें नियमितीकरण करून कुटुंबांक तांच्या

घराचो कायदेशीर हक्क आनी अधिक सुरक्षितता मेळोवन दिवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशे हे वेळर मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

ह्या कार्यावळीत नुवे वाठारातल्या नागरीकांक आमदार निधितल्यान उदकाची साठवणुक करपाच्या उद्देशान 5 हजार उदकाच्यो टाकयो वाटपाचीय कार्यावळ जाली. तशेंच विज्ञान, फॅशन आनी पर्यटन क्षेत्रांत उल्लेखनीय कामगिरी करपी गोयच्या तरणाट्यांचो भौमान जालो. ह्या तरणाट्यांची मेहनत आनी यशाचो गोयांक अभिमान आसा, आनी तांच्या कौशल्यांक आनी आकांक्षांक उबार्‍ा दिवपाक सरकार वचनबद्ध आसा अशे हे वेळार मुखेलमंत्र्यानी म्हटलें.

केंद्रीय शिक्षण मंत्रालय आनी साक्षरता विभागाच्या मार्गदर्शक तत्त्वांचेर आदारून गोंय समग्र शिक्षा विभागान राज्यातल्या सगळया सरकारी, अनुदानित आनी खाजगी विना-अनुदानित शाळांनी १ ते १५ सप्टेंबर २०२६ या काळांत 'स्वच्छताय पंदरस 'ई-कचरो जागरुकताय आनी संकलन मोहीम' आयोजीत करपाचे आवाहन केलां. वर्स २०१६ सावन ही पंदरस स्वच्छताय पंदरस म्हण मनयतात. 'मिशन लाईफ' अंतर्गत शाळांतल्यां इको क्लब्सच्या वतीन ही मोहीम चालीक लायतले. या मोहिमे अंतर्गत शाळांतल्या विद्यार्थ्यां मदीं ई-कोयराचो सुरक्षित विलो लावपावीशी जागरुकताय करप आनी संकलन मोहीम राबवप जातली. समाजांत आनी विद्यार्थ्यां मदीं नितळसाणेची आवड निर्माण करप आनी पर्यावरणाचे रक्षण करप हाका केंद्र सरकारान व्हड प्राधान्य दिल्ल्यान विद्यार्थ्यांनी या कार्यावळीत व्हड्या संख्येन वाटो घेवन हो उपक्रम यशस्वी करचो, अशें आवाहन शिक्षण संचालनालयान केलां.

गर्भाशयाच्या कॅन्सरसावन राखण दिवपी ‘ह्युमन पॅपिलोमाव्हायरस’ HPV ही लस घेवपाक पात्र आशिल्ल्यो चलयो आनी तांचे पालक हांच्यामदीं लसीकरणाविशीं व्हड प्रमाणांत जागृताय निर्माण करपांक सहकार्य करचें, अशें शिक्षण खात्यान राज्यातल्या शाळांकडेन मांगला. भलायकी खात्याच्या नव्या मार्गदर्शक तत्त्वांक अनुसरून शिक्षण संचालनालयान हें परिपत्रक जारी केलां. एच. पी. व्ही लस चलयांखातीर कशी लावकारक आसा ताचे म्हत्व पटोवन दिवप लशेंच ही लस खय उपलब्ध आसा ते विशीं सांगप अशी कामा शाळांतल्या शिक्षकांकडल्यान विद्यार्थ्या मेरेन पावत जाल्यार बरें जातले अशें शिक्षण संचालनालयाच्या परिपत्रकात म्हळा .

फाटल्या २४ वरांनी गोंयच्या चडशा वाठारांनी हळुवार ते मध्यम प्रमाणांत पावस पडलां. तशेंच फुडेय राज्यांतल्या विंगडविंगड वाठारांनी अश्याच प्रमाणात पावस पडपाची बरीच शक्यताय असून, हवामानखात्यान पावसाची शिटकावणी जारी करुंग ना.

आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट काउन्सिलाच्या म्हायतीप्रमाण 2027न जावपी चॅम्पियन्स ट्रॉफीचे येजमानपण श्रीलंकेकडल्यान काडून भारताक दिलां. स पंगड असलेली ही सर्त 14 ते 28 फेब्रुवारी मेरेन मुंबय आनी वडोदरा हांगा जातली. क्रिकेट प्रशासनाकडेन आशिल्ल्या समस्यांक लागून श्रीलंकेंचें येजमानपणाचे हक्क फाटीं घेऊन आयसीसीन भारताक नवो यजमान म्हूण मान्यताय दिल्या.